# कार्यपत्रक

# यत्ता: पयली कोंकणी

शिक्षण संचालनालय
राज्य शिक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिषद
गोवा समग्र शिक्षा

२०२०-२०२१

यत्ता : पयली

**विशयः- कोंकणी**

पाठ 1 - टण टण

पालकांकडेन नमळायेचें मागणें..

पालक इश्टांनो,

समेस्त संवसार कोविड-19 दुयेंसाक लागून चिंतेस्त आसा. सगळे वेव्हार आसा त्याच जाग्यार थांबल्यात.

ह्या म्हामारीक लागून शाळाय थांबल्यात. आनी त्यो केन्ना सुरू जातल्यो, हें ह्या खिणाक कोणूच सांगपाक शकना.

फाटले कांय दीस तुमचीं भुरगीं तुमच्याच सांगातान आसात. जून म्हयनो हो शाळा सुरू जावपाचो. नवीं पुस्तकां, नवें शाळा साहित्य, नवे इश्ट, हांची भुरग्यांक सदांच उमळशीक.

पूण ह्या वर्सा मात परिस्थिती मात्शी खेरीत! ह्या वर्सा तुमकांच तुमच्या भुरग्यांचे पालक आनी शिक्षकय जावचे पडटले. हेखातीर घरा रावून कसो जमता तसो तुमच्या भुरग्यांचो अभ्यास तुमीच घेवचो पडटलो.

भुरग्यांचो अभ्यास घेवपाखातीर आमी 15 दिसांचें कार्यपत्रक तयार केलां. तातूंत दिल्ल्या सुचोवण्यांप्रमाण भुरग्यांकडल्यान अभ्यास करून घेवचो आसा.

भुरग्यांक हांसपाक, खेळपाक खूप आवडटा. शाळेंत तीं आपल्या इश्टांकडेन खेळत, हांसत आपलो अभ्यास पुराय करतात. आमी दिल्ल्या कार्यपत्रकांतय तांचें शिक्षण हांसत, मजेंत जातलें, हाची जतनाय घेतल्या.

भुरगीं अभ्यासांत गुल्ल जातलीं, अशें वातावरण घरांत निर्माण करचें, अशी पालकांकडच्यान अपेक्षा आसा. पालकांचें सहकार्य मेळटलेंच, हाची आमकां खात्री आसा.

भुरग्यांच्या पर्जळीत फुडाराखातीर जें कितें करप शक्य आसा, तें करपाखातीर तुमच्या-आमच्या एकठांवल्ल्या यत्नांची जोड दिवया.

सगळ्यांक देव बरें करूं.

## अभ्यास -1:

यत्ता : पयली
विशयः– कोंकणी
पाठ 1 - टण टण

**खाशेली सुचोवणी:**


पालकांनी दर दिसा भुरग्यांखातीर म्हण 1-2 वरां तरी वेळ काडचो. तांकां देखदिण्यो काणयो सांगप, आपल्या ल्हानपणांतल्यो काणयो सांगप, तांचेकडेन खेळप, अशे तरेन तुमी भुरग्यांक उमेदी दवरूंक शकतले.

उद्दिश्टां:

१. भुरगीं पाठांत आयिल्लीं अक्षरां वळखतात.
२. भुरगीं पाठांत आयिल्लीं अक्षरां पळोवन वा आयकून स्वता बरोवंक शकतात.
३. अक्षरां, वस्तू वा चित्रांचो संबंद जोडून स्वताच्या उतरांनी मांयभाशेंत (जर मांयभास कोंकणीखेरीत आसत जाल्यार) उक्तावपाक शकतात.

**पालकांखातीर सुचोवणी**:- अभ्यासांत चित्रां दाखयल्यांत, त्यो वस्तू भुरग्यांक दाखोवन तांचीं नांवां भुरग्यांक सांगपाक लावचीं.

प्र. दिल्ली वस्तू वळखून नांव सांग.





जापो: **<u>ट</u>**माट, बा**<u>ण</u>**, **<u>घ</u>**र, **<u>ल</u>**सूण, **<u>च</u>**पाती

## अभ्यास - २:

**पालकांक सुचोवणी**: अभ्यासांत दाखयल्यात त्यो वस्तू भुरग्यांक दाखोवन तांचीं नांवां भुरग्यांक सांगपाक लावचीं.

प्र. दिल्ली वस्तू वळखून नांव सांग.












जापो: कपा**ट**, घो**ण**, **घ**ड्याळ, **ल**वंग, **च**कली/चक्री

## अभ्यास - ३:
## पळय आनी चिरय.

**पालकांक सुचोवणी**: सकयल दिल्ल्या चित्रांत लेखनाची तयारी करपाखातीर कांय कुरवो दिल्यात. तांच्या मुखार आशिल्ल्या तिब्यांच्या वळींचेर पालकांनी त्यो कुरवो भुरग्यांकडल्यान बरोवन घेवच्यो. बरोवपाखातीर पेंसिलीचो वापर करचो.




## अभ्यास - ४:
## दिल्लें चित्र रंगय.

पालकांक सुचोवणी: भुरग्यांक चित्रां रंगोवपाक आवडटा. म्हण अभ्यासांत मदीं चित्रां घातल्यांत. तीं चित्रां तांच्या आवडीन रंगोवपाक दिवचीं. रंगोवपाखातीर पेंसिल रंग वापरचे. भुरगीं रंग तोंडांत घालचीं नात हाचेकडेन लक्ष दिवचें.




## अभ्यास - ५:
## पळय आनी चिरय.

पालकांक सुचोवणी: सकयल दिल्ल्या चित्रांत लेखनाची तयारी करपाखातीर कांय कुरवो दिल्यात. तांच्या मुखार आशिल्ल्या तिब्यांच्या वळींचेर पालकांनी त्यो कुरवो भुरग्यांकडल्यान बरोवन घेवच्यो. बरोवपाखातीर पेंसिलीचो वापर करचो.



## अभ्यास - ६:
## पळय आनी जोड्यो लाय.


पालकांक सुचोवणी: सकयल सुणीं आनी तांच्यो सावळ्यो हांचीं चित्रां दिल्यांत. पालकांनी भुरग्यांकडल्यान तांच्यो जोड्यो लावन घेवच्यो.



**अभ्यास - ७:**


**पळय आनी चिरय.**

पालकांक सुचोवणी: सकयल 'ट' अक्षर दिलां. तें कशें बरोवप हें दाखोवपाखातीर त्या अक्षराचेर क्रमान आंकडे दिल्यात. अक्षरामुखार दिल्ल्या तिब्यांच्या वळीचेर पालकांनी ‘ट’ अक्षर भुरग्यांकडल्यान दिल्ल्या क्रमान बरोवन घेवचें.



## अभ्यास - ८:
## पळय आनी चिरय.

पालकांक सुचोवणी: सकयल 'ण' अक्षर दिलां. तें कशें बरोवप हें दाखोवपाखातीर त्या अक्षराचेर क्रमान आंकडे दिल्यात. अक्षरामुखार दिल्ल्या तिब्यांच्या वळीचेर पालकांनी ‘ण’ अक्षर भुरग्यांकडल्यान दिल्ल्या क्रमान बरोवन घेवचें.




## अभ्यास - ९:
## दिल्लें चित्र रंगय.

पालकांक सुचोवणी: सकयल दिल्लें चित्र पालकांनी भुरग्यांकडल्यान रंगोवन घेवचें. रंगोवपाखातीर पेंसिल रंगांचो वापर करचो. भुरगीं रंग तोंडांत घालचीं नात हाचेकडेन पालकांनी लक्ष दिवचें.



## अभ्यास - १०:
## पळय आनी चिरय.

पालकांक सुचोवणी: सकयल 'घ' अक्षर दिलां. तें कशें बरोवप हें दाखोवपाखातीर त्या अक्षराचेर क्रमान आंकडे दिल्यात. अक्षरामुखार दिल्ल्या तिब्यांच्या वळीचेर पालकांनी ‘घ’ अक्षर भुरग्यांकडल्यान बरोवन घेवचें.



## अभ्यास - ११:
## पळय आनी चिरय.

पालकांक सुचोवणी: सकयल 'ल' अक्षर दिलां. तें कशें बरोवप हें दाखोवपाखातीर त्या अक्षराचेर क्रमान आंकडे दिल्यात. अक्षरामुखार दिल्ल्या तिब्यांच्या वळीचेर पालकांनी ‘ल’ अक्षर भुरग्यांकडल्यान बरोवन घेवचें.



## अभ्यास - १२:
## पळय आनी चिरय.

पालकांक सुचोवणी: सकयल 'च' अक्षर दिलां. तें कशें बरोवप हें दाखोवपाखातीर त्या अक्षराचेर क्रमान आंकडे दिल्यात. अक्षरामुखार दिल्ल्या तिब्यांच्या वळीचेर पालकांनी 'च' अक्षर भुरग्यांकडल्यान बरोवन घेवचें.

















## अभ्यास - १३

'टमाट' ही एक फळभाजी. आमी फळां, भाज्यो आनी जाय त्या जिनसांखातीर कोंकणींत खेरीत नांवांचो वापर करतात. सकयल कांय फळां आनी भाज्यांचीं कोंकणी नांवां दिल्यांत. पालकांनी ह्यो भाज्यो आनी फळां भुरग्यांक दाखोवन तांचीं कोंकणी नांवां आनी हेर भाशांतलीं नांवां अशी घोळोवणी करून घेवची. हो अभ्यास भुरग्यांच्या आनी पालकांच्या सोयीप्रमाण करूंक जाता.

फळां: अनस, आंतेर, काण्ण, काळींग, केळें, चुन्न, जाम, जांबळ,
पणस, पोपाय

भाज्यो: मुळो, बटाट, भेंडो, गाजर, कांदो, मेथी, तांबडी भाजी,
तायखिळो

This work is a production of Teachers, Teacher Educators and Technical Support Group of the Directorate of Education, State Council of Educational Research & Training and Goa Samagra Shiksha, Govt of Goa. Images used in the worksheet are not owned by the authors. This document is for instructional purposes only and cannot be reprinted for commercial purposes.